प्रादेशिक खबरो राजश्री कामत 26.05.2025 @ 7.20 pm

आकाशवाणी पणजीच्या

.. राश्ट्रीय अभिमानाची एक बळिश्ट अभिव्यक्ती म्हूण शेंकड्यांनी नागरिकांनी एकठांय येवन तिरंगा यात्रेत वांटो घेतलो

.. राज्यांतल्या माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांनी 'जल शक्ति अभियान - कॅच द रेन ' कार्यावळीं बेगोबेग हातांत घेवच्यो अशें आवाहन गोवा समग्र शिक्षा अभियानाचे प्रकल्प संचालक डॉ.शंभू घाडी हांणी केलां

.. गोंय तियात्र अकादमीन 2 जून क तियात्राचेर एका दिसाच्या दिशा निदेशन अभ्यासक्रम सत्राचे आयोजन केला.

.. कोविडच्या वाढत्या घटनांनि सध्या भीयेवपाचे कारण ना, ह्या दुयेंतींची तीव्रता कमी आसा अशें भारतीय वैजकी संशोधन मंडळाचे महासंचालक डॉ.राजीव बहल हांणी सांगलें.

.. उत्तर आणि दक्षिण गोयात काय काही सुवातांनी घोघ्यानी पाऊस पडपाची शक्यता आसा.

महेश 135

राश्ट्रीय अभिमानाची एक बळिश्ट अभिव्यक्ती म्हूण शेंकड्यांनी नागरिकांनी एकठांय येवन भारताचे बळगें, एकचार आनी लवचीकता मनोवपाक तिरंगा यात्रेत वांटो घेतलो. सगळ्या थरांतले दादले, बायलो आनी तर्नाटयांनी तिरंगा उंच धरून, देशभक्तीचीं गितां गावन राष्ट्रा कडेन आपलो एकचार दाखोवपी रेली काडली. ही रॅली म्हत्वाची महत्त्वपूर्ण झूज बंदी जाले उपरांत फकत धा दिसांनी जाली, तरी लेगीत वातावरण भावनेन आनी अभिमानान भरिल्लें. सहभागींनी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वेलो विश्वास खोलायेन उक्तायलो, आव्हानात्मक काळांत ताच्या घटमूट फुडारपणाची आनी अखंड आदाराची तोखणाय केली. Byte

हालींच जाल्ल्या घडणुकांनी भारतीय खऱ्या अर्थान कितले बळिश्ट आनी एकवटीत आसात हाची याद करून दिल्या अशें जायत्या जाणांनी सांगलें. भारतीय सैन्याच्या शिस्तबद्ध कृतीचीय तोखणाय जाली, खंयच्याच नागरीकाक लुकसाण जावंक ना, फकत आतंकवाद्यांकच अचूकतेने लक्ष्य केलें अशें लोकांनी भर दिलो. हाका लागून आमकां भारतीय आशिल्ल्याचो अभिमान दिसता अशें एकटो उलयलो त्रिरंगा यात्रा एकचार, धैर्य आनी राष्ट्राच्या अटळ भावनांचें जिवें प्रतीक म्हणून दिसली

सुभाष 130

राज्यांतल्या माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांनी 'जल शक्ति अभियान - कॅच द रेन ' हे मध्यवर्ती संकल्पने खाला आखून दिल्ल्यो सगळयो कार्यावळीं बेगोबेग हातांत घेवच्यो अशें आवाहन गोवा समग्र शिक्षा अभियानाचे प्रकल्प संचालक डॉ.शंभू घाडी हांणी केलां. तशेंच घरांच्या छप्परांवेले उदक सांठोवन दवरप आनी विद्यार्थ्यां मदीं जलदूत येवजण चालीक लावपाचें काम बेगीन करपाक जाय अशेंय डॉ. घाडी हांणी ह्या संबंदातल्या परिपत्रकावरवी मांगलां. जल शक्ति अभियानाची मोहीम प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी २२ मार्च २०२१क सुरू केल्ली. अंदूं हे मोहिमेची सवी आवृत्ती सुरू आसा. ओंदूच्या जल शक्ति अभियान मोहिमेखाला २२ मार्च २०२५ सावन वेगवेगळे उपक्रम सुरू केल्यात. ह्यो सगळयो कार्यावळी ३० नोव्हेंबर २०२५ मेरेन चालू उरतले. पावसाचे उदक साठोवपा संबंदी तशेंच विद्यार्थी जलदूत नेमपा विशींच्यो सगळयो सुचोवण्यो माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या मुखेल्यांक पयलींच धाडल्यात. अंदूं शारी आनी गावातल्यो शाळा लेगीत या मोहिमेत वांटो घेतल्यो.

Panchayati raaj 75

पंचायती राज मंत्रालयान आज नवी दिल्लीत २०२३-२४ या आर्थिक वर्सा खातीर पंचायत प्रगती निर्देशांक (पीएआय) आवृत्ती २.० च्या अंमलबजावणी चेर दोन दिसांच्या राष्ट्रीय लेखन-कार्यशाळेचे आयोजन केले. या वेळार उलयताना पंचायती राज मंत्रालयाचे सचिव विवेक भारद्वाज हाणी म्हणले की, पीएआयत १०० परस चड निर्देशक आसात आणि ते सामाजिक विकासाचे व्यापक चित्र प्रदान करतात. या कार्यक्रमात, २०२३-२४ या आर्थिक वसाखातीर पंचायत प्रगती निर्देशांक २.० पोर्टलचेय लाँचिंग केले. पोर्टला वागडा २०२३-२४ या आर्थिक वर्सा खातीरय पीएआय २.० च्या स्थानिक निर्देशक चौकटीवेली एक पुस्तिका लेगीत प्रकाशित केली

DIP 60

गोंय तियात्र अकादमीन 2 जून क सकाळी 10.00 ते सांजेची 5.00 वरा मेरेन तियात्र अकादमीच्या हॉलांत तियात्राचेर एका दिसाच्या दिशा निदेशन अभ्यासक्रम सत्राचे आयोजन केला. दिशानिदेशन कार्यशाळेत दिग्दर्शन, तियात्र लेखन, अभिनय, गायन आनी तांत्रिक विशयाचेर मार्गदर्शन करतले. युवक, विद्यार्थांक तियात्राच्या मळार प्रोत्साहन दिवपा खातीर ह्या दिशा निदेशन कार्यक्रमाचे आयोजन केला. इत्सुकांनी अकादेमीच्या ह्या संकेत थळा वयल्यान अर्ज करचो. अर्ज दीवपाची निमाणी तारीख 29 मे 2025 आसा.

DIP 110

कला आनी संस्कृती संचालनालयान 10 ते 15 वर्सा पिरायेच्या भुरग्यांखातीर आयोजीत केल्ल्या पाच दिसांच्या फोटोग्राफी कला कार्यशाळेचे उक्तावण आयज संचालनालयाचे संचालक सगुण वेळीप हांचे हस्तुकीं जाले. ही कार्यशाळा संस्कृती भवनातल्या मल्टिपर्पज हॉलांत 26 ते 30 मे मेरेन सकाळी 10.00 ते दनपारां

12.00 मरेन चलतली. ह्या कार्यशाळेत सुमार 50 भुरग्यांनी वाटो घेतला.भुरग्यांक फोटोग्राफी कलेचे मुळावे गिन्यान दिवप हो कार्यशाळेचो उद्देश आसून फोटोग्राफीची आवड आशिल्ल्या भुग्यांक फुडारांत ह्या कलेत आपले कॅरियर लेगीत घडोवपाक कार्यशाळेचो फायदो जातलो, अशें वेळीप हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें. कार्यशाळेत परितोष पै आनी रमा पै भुरग्यांक कॅमेरा वापरपाचे प्रात्यक्षिक मार्गदर्शन करतले.कला आनी संस्कृती खात्याचे लेखा उपसंचालक राजू गावकर, सांस्कृतिक अधिकारी क्रांती च्यारी, परितोष पै आनी रमा पै आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

कोविड 85

देशभरांतल्या कोवीड प्रकरणांचो सोद घेवपाक सरकार एकात्मिक रोग देखरेख कार्यावळ आयडीएसपी वरवीं कोवीड परिस्थितीचेर नदर दवरूण आसा अशें भारतीय वैजकी संशोधन मंडळाचे महासंचालक डॉ.राजीव बहल हांणी सांगलें. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना कोविडच्या वाढत्या घटनांनि सध्या भीयेवपाचे कारण ना, ह्या दुयेंतींची तीव्रता कमी आसा अशें तांणी सांगलें. लोकांक सादूर रावपाचो सल्लो तांणी दिलो. मजगतीं, कोरोनाचो प्रकार व्हायरसा भशेन ल्हवू ल्हवू विकसीत जावपाक लागला म्हणून भीयेवपाचे कारण ना अशें दिल्लीचे भलायकी मंत्री पंकज सिंग हाणी सांगलां. आतां आयिल्ल्या दुयेंतींक सामान्य थंडी आनी खाकेचीं लक्षणां दिसतात अशें तांणी सांगलें.

Jha 80

भारतान वेगवेगळया देशांक भेट दिवन संवसारीक पांवड्यार आतंकवादाक तेको दिवपाचे पाकिस्तानाचे नापाक हेत उक्ते करपाचें काम चालूच दवरलां आनी ह्या धोक्याचेर शून्य सहनशीलतेचो नवी दिल्लीचो संदेश पसरायला अशी खबर आसा JDUचे खासदार संजय कुमार झा हांच्या फुडारपणा खाला सर्वपक्षीय

शिष्टमंडळान आयज दक्षिण कोरियांतल्या सिओलांतल्या थिंक-टँका कडेन संवाद सादलो आनी पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो उल्लेख करून फाटल्या 40 वर्सां सावन आतंकवादाक प्रोत्साहन दिवप हें पाकिस्तानाचें धोरण आशिल्ल्याचेंर उजवाड घालो.. संजय झाच्या फुडारपणा खाला एका शिश्टमंडळान कोरिया-भारत संसदीय इश्टागत गटाचे अध्यक्ष युन हो-जंग हांचे कडेय बसका घेतली.

हवामान 170

उत्तर आणि दक्षिण गोयात काय काही सुवातांनी  घोघ्यानी पाऊस पडपाची शक्यता आसा. गोयात चडशा सुवातींनी मध्यम प्रमाणात पावस पडलो आनी काय भीतरल्या सुवातेर चड पावस पडलो• दाबोली हांगा सगळयांत चड चडांत चड तापमान २९.४ सॅ उणें उण्यांत उणें तापमान २३.४ सॅ नोंद जाला. वराक ४०-५० किमी ते ६० किमी वेगान वादळी वारे व्हावपाची शक्यता आसा.ह्या वादळी मोसमात, गड गड, झगलावणे,उदक भरप, झाडा पडप, वीज नासप अशो घडणूको जाव येता देखुन हवामान खात्यान काय सूचना दिल्यात. येरादारी सुचोवण्यो आसल्यार, पाळचीं.• असुरक्षित इमारतींनी व ताचे पोंदा  रावप टाळचें.• हुंवार/भूंयकांपाची समस्या आशिल्ल्या वाठारांनी वचप टाळचें.• पर्यटकांक वा हेराक दर्यांत वचपाक आडावचे. • व्हड पावसाच्या वेळार फेरीबोटी सेवा अल्पकाळ स्थगीत करप.• लोक सखल वाठारांतल्यान सुरक्षीत सुवातेर स्थलांतरीत जावंक शकतात.• ज्या वाठारांनी उदक साचप  हें वारंवार समस्या आसता थंय वचप टाळचें.• तुमचो प्रवास सुरू करचे पयलीं तुमच्या मार्गाचेर, खास करून शाराच्या मध्यभागांत कसलोय येरादारीची कोंडी आसा काय ना तें पळयात.• घरांत रावात , जनेलां आनी दारां बंद करात आनी शक्य जाल्यार प्रवास टाळा. • सुरक्षीत आलाशिरो घेवचो, झाडां सकयल आलाशिरो घेवचो न्हय.• काँक्रीटाच्या फरशिर न्हिदूं नाकात आनी काँक्रीटाच्या वण्टींक तेंकून रावचे न्ही •

विद्युत/इलॅक्ट्रॉनीक उपकरणां अनप्लग करा.• उदकाच्या स्त्रोतांतल्यान रोखडेंच भायर सरचें.• वीज वाहक सगळया वस्तूं पासून पयस रावचें.• शेतकी कामा थोडी थांबोवची • उक्त्या शेतांत जनावरां चरप टाळचें.

DIP 20

पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान आवाज प्रदुशण नियंत्रण कायदो-2000 खाला आवाजाच्या प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपाखातीर अधिकारीणी म्हुण वेगवेगळया अधिकाऱ्यांची नेमणूक केल्या

DIP 100

गोंय सरकार “विकसीत गोंय- 2047” चेर डॉक्युमेंट तयार करता. डॉक्युमेंटात तरेकवार म्हत्वाच्या तासांचो आस्पाव आसतलो, जांची सरकाराक गोंय हे विकसीत राज्य करपाच्या वाटचाली खातीर धोरण थारावपाक मजत जातली. “विकसीत गोंय- 2047” ह्या व्हिजन डॉक्युमेंटा खातीर लोकांकडल्यान सुचोवण्यो/मतां मागोवपा खातीर क्युआर कोड प्रकाशीत केला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय 2047 वर्स मेरेन विकसीत राज्य करपा खातीर लोकांक आपल्यो सुचोवण्यो/मतां दिवपाचो उलो मारला. लोकांकडल्यान आयिल्ल्या मोलादीक सुचोवण्यांक लागून सरकाराक नवीन उपक्रम, कार्यक्रम, येवजणो आनी धोरणां थारावपाक नक्कीच मजत जातली.